**तियात्र अकादेमीचे पुरस्कार फाल्या भेटयतले**

ता. 16 डिसेंबर 2020

गोंय तियात्र अकादेमी प्रत्येक वर्सा पाय तियात्रिस्त म्हुण वळखुपात येवपी नामनेचे तियात्रिस्त सर्गेस्त जुवाव आगोस्तिनो फर्नांडिस हांचो जल्म दीस मनयता आनी ह्या वेळार तियात्राच्या रंगमाचयेक मोलादीक योगदान दिवपी तियात्रिस्तांचो पुरस्कार भेटोवन भोवमान करता. गोंय तियात्र अकादेमीन फाल्या ता. 17 डिसेंबर 2020 दिसा सांजेच्या 3.30 वरांचेर रवींद्र भवन, मडगांव हांगा आयोजीत कार्यक्रमात आठ तियात्र कलाकारांक पुरस्कांर भेटोवपात येतले.

उपमुख्यमंत्री श्री. बाबू कवळेकर ह्या कार्यक्रमाक मुखेल सोयरे म्हुण हाजिर रावतले. नामनेचे तियात्र कलाकार श्री. साबिना फर्नांडिस ह्या कार्यक्रमाचे मानाचे सोयरे जाल्यार सर्गेस्त पाय तियात्रिस्ताची नात श्रीमती शर्मिला फर्नांडिस खास निमंत्रित म्हुण हाजिर आसतल्यो.

पुरस्कार भेटोवपाचो कार्यक्रम जाले उपरांत टोनी द रायबंदर आनी पंगडाचो सांस्कृतिक कार्यक्रम जातलो.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2020/729

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji